AXIS BANK

CASA-BYOD-AOF-for-Electronically-Source-Accounts TnC

सगल्यांत म्हत्वाचे नेम आनी कायदे (गिरायक प्रत)

हांवें (ह्या संदर्भांत, "हांवें", "म्हजें" आनी "हांव" म्हणल्यार खात्याचे सगले धारक असो अर्थ जातलो) सकयल्यो अटीआनीनेम वाचल्यात आनी समजून घेतल्यात आनी अटीआनीनेमांनी किदेंय बदल जाल्यार त्यो फकत www.axisbank.com ह्या वॅबसायटीचेर उपलब्ध आसतल्यो हें म्हाका समजलां.

**इलॅक्ट्रोनीक फॉर्म भरप:** हांव/आमी हाचे वरवीं टॅब्लेट वापरून ऍक्सिस बँकेंत खातें उगडपाची खात्री करतात आनी कर्मचारी/प्रतिनिधी आयडी ___________ आशिल्ल्या ऍक्सिस बँक लिमिटेडच्या कर्मचाऱ्याक/ प्रतिनिधीक म्हज्या/आमचे वतीन आनी हांवें दिल्ल्या सुचोवण्यां प्रमाणें इलॅक्ट्रॉनीक अर्जांत खातें उगडपाचो तपशील दाखल करपाक _________ अधिकृत करतात. ताणें/तिणें इलॅक्ट्रॉनीक अर्जांत घाल्लो तपशील हांवें/आमी नियाळला आनी तपासला आनी तो खरो, योग्य आनी अपडेट आसा हाची खात्री केल्या आनी अर्ज तपशीलांची हांवें नियाळणी, सत्यापन आनी पुष्टी केल्या उपरांत इलॅक्ट्रॉनीक अर्ज फॉर्माच्या संदर्भांत वयर सांगिल्लो संदर्भ क्रमांक ऍक्सिस बँकेन तयार केला. वयर उल्लेख केल्ल्या अर्ज क्रमांका खातीर इलॅक्ट्रोनीक अर्ज फॉर्म आनी कागदपत्री सत्यापन फॉर्म दोनूय खातें उगडपाचे दस्तावेज म्हूण मानतले.

**खातें उगडप/सेवा दिवप:** खातें उगडपा सयत सगल्यो सेवा हांवें पुरवण केल्ल्या म्हायती/दस्तावेजांच्या पुनर्तपासणेच्या अधीन आसात. खंयच्याय कारणाक लागून हें खातें उगडलें ना जाल्यार, आरंभीक निधी रक्कम जर ती रक्कम 20,000 रु. वयर आसल्यार म्हाका फकत डीडी/बँकेचो चॅक वा पीओ वरवीं परत करतले.

**सेवा:** सगळ्यो सेवा ऍक्सिस बँके कडल्यान सगळ्यांत बऱ्या यत्नाच्या आदाराचेर दितले. म्हाका मेळपी सेवांची पुराय वळेरी www.axisbank.com ह्या वॅबसायटीचेर उपलब्ध आसतली. अस्तित्वांतलो गिरायक नासत जाल्यार, हेर तरेन मेळत जाल्यार हांव पुष्टी करतां की, बँक म्हाका कळीत केले बगर, ताणें थारायिल्ल्या प्रमाणें गिरायक आयडी एकत्रीत करपाचो अधिकार राखून दवरता.

**फी आनी शुल्कां:** म्हज्या खात्याचेर आनी हांव घेता त्या हेर सेवां खातीर फी आनी शुल्क लागतले, जाचो उल्लेख अत्यंत म्हत्वाचो दस्तावेज/शुल्कांचे नियोजन आनी www.axisbank.com वॅबसायटीचेर उपलब्ध आसतलो आनी वेळच्या वेळार लागू जावपी जीएसटी आनी हेर कायदेशीर शुल्क सगल्या फियांचेर लागतले.

**कळंतराची फारीकसाण**: येवजणी प्रमाणें तुमच्या बचत खात्यातल्या शिल्लकीचेर ऍक्सिस बँक कळंतर फारीक करतली.

**फी आनी शुल्कां, सेवा आनी कळंतर दरांनी बदल:** फी आनी शुल्कांनी किदेंय बदल/रद्द करप जायत जाल्यार म्हाका पत्र/एसएमएस/वॅबसायट/ईमेल वा हेर माध्यमातल्यान किमान 30 दीस आदीं कळयतले.

**वसुली:** फी/शुल्कां फारीक करूंक खात्यांत निधी उपलब्ध नासल्यार, एकठांवणी येणावळींतल्यान वा खंयच्याय ठेवींतल्यान खात्यांत येवपी रकमे सयत खंयचेंय उपलब्ध क्रेडीट सेट करपाक हांव ऍक्सिस बँकेक अधिकृत करतां.

**डेबिट मर्यादा:** खातें उगडपाच्या कागदपत्रांची बारीकसाणेन तपासणी करून बँकेचें समाधान जायना तो मेरेन खात्याची डेबिट मर्यादा 50000 रुपया आसतली हाची म्हाका जाण आसा. ऍक्सिस बँकेच्या प्रतिनिधी स्रोत खात्याच्या बाबतींत, बँकेन दस्तावेजांचें सत्यापन केल्या उपरांतच डेबिट वेव्हारा खातीर खातें सक्रिय जातलें.

**अकार्यक्षम खातें:** खात्यांत म्हजे कडल्यान 2 वर्सां वा ताचे परस चड काळा खातीर खंयचोच वेव्हार जालो ना जाल्यार तें अकार्यक्षम खातें म्हणून माननात.

**खातें गोठवप:** हेर तरेन सांगिल्लें सोडल्यार, म्हाका सुचोवणी दिवन, सकयल दिल्ल्या परिस्थितींत म्हजें खातें गोठवपाक हांव बँकेक अधिकार दितां अ. खातें उगडपाखातीर म्हजे कडल्यान सादर केल्ले दस्तावेज समाधानाकारक नासले जाल्यार. ब. खातें धारक आसपी, अल्पवयीन, प्रौढ जाता क. म्हज्या खात्यांतलो वेव्हार हांवें सुरू करूंक ना असो दुबाव बँकेक आयल्यार (आदींच केल्ल्या वेव्हाराखातीर बँक कसलीच लागणूक घेना). ड. म्हज्या खात्याचो मनी म्यूल खातीर गैरवापर जाता वा बेकायदेशीर पयशे ओडपाखातीर वा कसलीय अवैध कृती करपाखातीर तें एक चॅनल आसा असो बँकेंक दुबाव आयल्यार. (ह्या प्रकरणांत म्हाका नोटीस धाडचे नात) च. जर खातें उगडपाची विनंती फॉर्म 49ए आनी/वा आधार नोंदणी क्रमांकावरवीं जाल्या जाल्यार, बँकेक खातें उगडपाच्या प्रकाराचेर आदारून विशिश्ट काळा भितर आवश्यक पॅन आनी आधार क्रमांक बँकेक सादर करप गरजेचें आसा.

**खातें बंद करप:** हांव बँकेक, म्हाका पूर्व सुचोवणी दिनास्तना, म्हजें खातें बंद करपाचो अधिकार दिता, जर अ. 3 म्हयने वा चड काळाखातीर खात्यांतली शिल्लक शून्य आसा. ब. म्हज्या खात्यांतल्यान फारीकसाणी डिसऑनर जावपाच्यो घडणूको वाडल्यात. क. आंवाठ/वेव्हार प्रकाराच्या बाबतींत खातें वेवस्थीत चलयनात जाल्यार. ड. खात्याच्या असमाधानकारक वेव्हाराक लागून.

**खातें रुपांतरण (पगारदार बचत खातें धारकाक लागू जाता) :** म्हज्या पगार खात्यांत 3 म्हयन्यांपरस चड तेंप पगार जमा जालो ना, कसलेच सुचोवणी वा कळोवणे शिवाय (सगल्या लागू जावपी शुल्कां आनी फियां सयत) खातें स्वयंचलीतपणान सामान्य बचत खात्यांत रुपांतरीत जातलें आनी पूर्ण केवायसी लागू जातली, तशें करपाक अपेस आयल्यार, खात्याचेर क्रेडिट गोठेवणी लागतली.

**वेव्हार:** खात्यां संबंदान ऍक्सिस बँकेक खंयच्योय सुचोवण्यो, अर्थिक/गैर-अर्थिक स्वरूपाच्यो (देखीक: चॅक बूक/कार्ड जारी करप, वित्त उलाढाली, व्यक्तिगत तपशील अपडेट करप इ.) हांव, बँकेन वेळच्या वेळार येवपी नियामक मार्गदर्शक तत्वांचेर आदारून स्पश्ट केल्ल्या फकत अधिकृत चॅनला वरवींच पुरवण करतलो. अधिकृत चॅनला वरवीं न येवपी सुचोवण्यांचेर ऍक्सिस बँक कृती करप अपेक्षीत आसची ना पूण कांय असामान्य परिस्थितींत संबंदीत सुविधा पुरवण करूंक निर्णय घेवंक शकता.

**चॅनल सुविधा:** ऍक्सिस बँकेन पुरवण केल्ल्यो सगल्यो चॅनल सुविधा जशें कीं डेबिट कार्डां, एटीएम कार्डां, इंटरनॅट बँकिंग इ. हांकां विशिश्ट मार्गदर्शक तत्वां आनी वेळच्या वेळार लागू जावपी अटीआनीनेंम लागू जातले जांचो उल्लेख www.axisbank.com चेर दिल्लो आसतलो. हांव/आमी मान्य करतात आनी सोपूत घेतात की म्हज्या/आमच्या खात्याच्या खंयच्याय संवेदनशील म्हायतीचो भाग इंटरनॅट/ईमेल/फोन माध्यम वरवीं घाळ जालो आनी तश्या प्रगटीकरणाक लागून किदेंय फटोवणूक जायत जाल्यार ऍक्सिस बँक तेखातीर जापसालदार आसची ना. तशेंच म्हजे खात्याकडेन लिंक केल्लीं चॅकाचें पान(पानां), क्रेडिट/डेबिट कार्ड(डां) शेणत जाल्यार तत्काळ बँकेक कळीत करतले असोय सोपूत घेता.

**डेबिट कार्ड:** डेबिट कार्डाचो वापर विनियोग नियंत्रण नियमना प्रमाणें आसतलो आनी खंयचेंय अपेस आयल्यार, विदेशी चलन वेवस्थापन कायदो 1999 आनी रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडियान नमूद केल्ल्या सुधारणांप्रमाणें कार्डधारक कारवायेखातीर जापसालदार आसतलो. ऍक्सिस बँक खातीर अस्वीकरण

**इंटरनॅट बँकिंग**: हांव/आमी कबुली दितात की जारी करप, ऍक्सिस बँक इंटरनॅट बँकिंग सुविधेचे वापराचेर वेळच्या वेळार चलणूकीत आसपी अटी आनी नेमांचो शेक आसतलो जाची म्हायती www.axisbank.com ह्या वॅबसायटीचेर दितले आनी ताका पाळो दिवप अनिवार्य आसतलें. म्हाका/आमकां खबर आसा की ऍक्सिस बँक लिमिटेड ई-मेली वरवीं गिरायकांक लॉगइन आयडी/पासवर्ड संबंदीत खंयच्याच प्रकारची म्हायती विचारना. हांव/आमी फुडें मान्य करतात आनी पुश्टी करतात की ऍक्सिस बँक हांवें म्हजो/आमचो लॉगइन आयडी, पासवर्ड, कार्डां, कार्ड नंबर वा पिन (वैयक्तीक वळख क्रमांक) कोणांकडेन वांटिल्ल्यान/उघड केल्ल्यान जाल्ल्या खंयच्याय लुकसाणी खातीर जापसालदार आसची ना तशेंच खंयच्याच अनधिकृत वापराक लागून हांव/आमी बँकेचेर दावो करचो/करचे नात. हांव/आमी म्हज्या/आमच्या खात्याचो तपशील राखपाखातीर सगली जतनाय घेतलो/घेतले अशे तरेन खंयचोय अनधिकृत वापर जावप टाळतलो.

**वैयक्तीक म्हायती:** अ. वैयक्तीक म्हायती सयत 2 सप्तकांभितर पुराव्याच्या दस्तावेजा सयत म्हज्या तपशीलाचें खंयचेंय अपडेशन, नाम्यात बदल इ. हांव बँकेक दितलो. हांवें चुकीची म्हायती दिल्ल्यान वा म्हाका आनी ऍक्सिस बँकेक येवंक शकता अशी म्हायती अपडेट करूंक नाशिल्ल्यान आनी ताचेर आदारीत बँक खरी आनी योग्य अशें वागूंक शकता अशा खंयच्याय फटवणूक, लुकसाण वा नुकसानाची क्षतिपूर्ति करपाक हांव ऍक्सिस बँकेक मान्यताय दितां. ब. खंयच्याय स्वरूपाची हांवें पुरवण केल्ली म्हायती (वैयक्तीक आनी संवेदनशील म्हायती सयत) सेवा वा सुविधा पुरवण करूंक, वेव्हाराक चालना दिवंक, म्हायती आनी अपडेटी (मूल्य-वर्धित सेवांसयत) पुरवण करूंक, संशोधन आनी विश्लेशण करूंक, पत स्कोअर, सत्यापन, टॅलिकॉम्युनिकेशन वा इलॅक्ट्रोनीक क्लिअरींग नॅटवर्कांत सहभागी जावंक आनी कायदो/बँकेच्यो रुढी पद्दती लागू जाता ते प्रमाणें वापरूंक उपेग करतले क. हांवें खंयच्याय प्रकारची पुरवण केल्ली सगळी म्हायती (वैयक्तीक आनी संवेदनशील म्हायती सयत) वेवसायीक उद्देशा खातीर आनी जाणून घेवपाची गरज आशिल्ल्या तत्वाचेर ऍक्सिस बँके कडेन करार आशिल्ल्या संस्था/सेवा पुरवणदारांकडेन वांटूं येता. बँकांच्या गुप्तताय धोरणा प्रमाणें ह्या संदर्भाचेर वेळावेळार लागू आशिल्ल्या नेम आनी कायद्यांक पाळो दिवपाचो ऍक्सिस बँक सदांच यत्न करतली. डेटा वांटपा खातीर म्हजी संमती रद्द करपाचो म्हजो हेतू आसल्यार, म्हाका उपलब्ध आशिल्लीं उत्पाद/सेवा, आदीं दिल्ल्या संमती प्रमाणें, आतां म्हाका उपलब्ध आसचीं नात, आनी म्हाका अशीं उत्पादनां/सेवा बंद करपाक सुरवात करची पडटली. ड. गरज पडल्यार वा कायदो, नेम वा नियमनां वरवीं अनुमती आसल्यार वा खंयच्याय भौशीक वा नियामक प्राधिकरणान विनंती केल्यार वा फसवणूक थांबोवपाखातीर वा भौशीक हिताखातीर, खातें धारकाक कळयनास्तना बँक घडये गिरायकाच्या खात्या संबंदीं म्हायती उघड करूंक शकता. जंय संयुक्त खातेंधारकांचे मोबायल नंबर दिल्ले आसात, थंय तांकां एटीएम, इंटरनॅट बँकिंग आनी मोबायल बँकिंग (लागू आशिल्ल्या प्रमाणें) हांचेर तांणी सुरू केल्ल्या वेव्हारा खातीर ह्या नंबराचेर एक वेळचो पासवर्ड (ओटीपी) आनी वेव्हार शिटकावणी मेळटली. आधार: हांव हाचे वरवीं सांगतां की आधार आदारीत प्रमाणीकरण प्रणाली वरवीं स्वताक प्रमाणीत करपाक म्हाका हरकत ना आनी आधार आदारीत प्रमाणीकरणा खातीर म्हजो आधार क्रमांक, बायोमेट्रीक आनी/वा एक वेळचो पिन (ओटीपी) डेटा (आनी/वा तत्सम खंयचीय प्रमाणीकरण यंत्रणा) दिवपाक संमती आसा. ऍक्सिस बँके कडल्यान बँकींग सेवांचो लाव घेवपाच्या उद्देशांक लागून, हांवें प्रमाणीकरणा खातीर दिवंक शकता ती बायोमेट्रीक आनी/वा ओटीपी आनी/वा हेर खंयचीय प्रमाणीकरण यंत्रणा फकत UIDAI कडल्यान eKYC मेळोवपा खातीर आधार प्रमाणीकरण प्रणाली वरवीं त्या विशिश्ट वेव्हारा खातीर म्हजी वळख प्रमाणीत करपा खातीर वापरतले आनी हेर खंयच्याच हेतू खातीर न्हय हें म्हाका समजता. हांव

समजता की आधार आदारीत सत्यापना खातीर पुरवण केल्ल्या म्हज्या वैयक्तीक वळख डेटाची सुरक्षा आनी गुप्ततायेची राखण ऍक्सिस बँक सुनिश्चीत करतली. तशेंच, आधार आदारीत प्रमाणीकरण वापरून हांव पात्र आशिल्ल्या येवजण्यांनी सरकारी फारीकणी मेळोवपा खातीर म्हजें लिंक केल्लें आधार सक्षम बँक खातें वापरपाक हांव हाचे वरवीं बँकेक अधिकृत करतां. कायदेशीर वेवसायीक उद्देशां खातीर म्हज्या अर्जाचेर प्रक्रिया करतना म्हजो आधार क्रमांक सत्यापीत करपाक आनी प्रमाणीत करपाक हांव ऍक्सिस बँकेक अधिकृत करतां. हांव बँकेक फुडें म्हजो आधार संबंदीत तपशील/म्हायती गरज पडल्यार आनी गरज पडटा तेन्ना नियामक/वैधानीक संस्थां कडेन वांटपाचो अधिकार दिता. म्हज्या खात्यांत अपडेट करपा खातीर म्हाका दिल्लो तोच आधार क्रमांक बँकेक सादर करपाचें हांव हातांत घेता. आधार सादर करप सक्तीचें आसा हें हांव जाणां आनी खातें उगडपाच्या तारखे सावन स म्हयन्यां भितर आधार क्रमांक सादर करूंक ना जाल्यार बँक म्हज्या खात्यांतलीं कामां बंद करतली हें म्हाका समजता. वयल्या घोशणापत्राक लागून केल्ल्या वा करपाक वगळिल्ल्या खंयच्याय कृती खातीर बँकेक सगळ्या वेळार क्षतिपूर्ति दिवपाक आनी क्षतिपूर्ति करपाचें हांव मान्य करता.

**इन्स्टा A/C घोशणा:** "हांव कबुल करता की म्हाका येवकार किटांत डेबिट कार्ड आनी चॅक बूक मेळ्ळा. हांवें बचत/चालू खातें उगडपाखातीर ऍक्सिस बँकेंकडेन संपर्क केला. म्हाका समजता की खातें क्रियाशील जाले उपरांत आनी म्हजेकडल्यान तशी कळोवणी आयले उपरांतूच हांव तें वापरूंक शकतलो. हाचें खंयचेंय उल्लंघन म्हज्या वटेन डिफॉल्ट म्हणून थारतलें अशें हांव फुडें हातांत घेता आनी अशें डिफॉल्ट घडल्या उपरांत कसलेंच कारण दिवंक नासतना सांगिल्लें खातें रोखडेंच बंद करपाचो अधिकार बँक राखून दवरता. येवकार किटाची डिलिव्हरी आनी/वा पावती म्हणल्यार ऍक्सिस बँकेन खातें उगडलां वा उगडपाक मान्यताय दिल्या असो अर्थ लावंक मेळना हें म्हाका खबर आसा. ऍक्सिस बँक लिमिटेड आपल्या एकमेव निर्णया प्रमाणें, एक तर फुडले कागदपत्रां खातीर फोन करूंक शकता वा खंयच्याय कारणाक लागून अर्ज न्हयकारूंक शकता. नाका म्हणल्यार येवकार किट आनी पत्र फाटीं घेतिल्लें अशें मानतले हाची म्हाका खबर आसा आनी तेंच बँकेक फुडें परतून दिवपाचें हांव हातांत घेता. हांव फकत खातें सक्रिय केल्या उपरांत चॅक जारी करतलों अशें हांव स्पश्ट करता, आनी म्हज्या खातें सक्रिय करचे पयलीं खंयचोय चॅक जारी केल्यार बँकेक जावंक शकता अशा खंयच्याय खर्चा, परिणामांक, खर्चा आदीं खातीर हांव बँकेक निरुपद्रवी दवरतलों. तुमकां तुमच्या खात्यांत रोख रक्कम जमा करपाची आसल्यार, उपकार करून शाखेक भेट दिवची. सेल्स स्टाफाक वा हेर खंयच्याय बँक प्रतिनिधीक रोख रक्कम दिवची न्हय. हांव हांगासर स्पश्ट करता की दिल्ली म्हायती अप टु डेट आसा आनी बरोबर आसा आनी हांव हांगासर म्हजो नवोताल्ल फोटो आनी केवायसी दस्तावेजांचे फोटो सादर करता. हांव जाणा की बँकेच्यो उत्पाद आनी सेवा लागू जावपी कायदे आनी नेमांच्या अधीन आसतल्यो. म्हाका कायदे आनी नेमांची एक प्रत मेळ्ळ्या आनी म्हाका हांवें सादर केल्ल्या अर्ज आनी नॉमिनेशन फॉर्माची पावती लेगीत मेळ्ळ्या.

**गिरायकाची मर्यादीत जापसालदारकी** - अ. म्हज्या/आमच्या घाळपणाक लागून जाल्ल्या हानी खातीर जशी की हांवें/आमी फारीकसाण क्रेडॅन्शिअल्स वांटले, जोमेरेन हांव/आमी बँकेक अनधिकृत वेव्हारा बद्दल कळयतनात तोमेरेन अनधिकृत वेव्हाराक लागून जाल्ल्या पुराय लुकसाणाक हांव/आमी जापसालदार आसतले. अनधिकृत वेव्हाराच्या कळोवणे उपरांत जाल्ल्या खंयच्याय हानी खातीर बँक जापसालदार आसतली. ब. ज्या प्रकरणांत अनधिकृत इलॅक्ट्रॉनीक बँकिंग वेव्हाराची जापसालदारकी बँकेचेर वा म्हजे कडेन/आमचे कडेन ना, आनी प्रणालींत हेर कडेन आसता आनी जेन्ना कळाव जाता (बँका कडल्यान संपर्क मेळ्ळ्या उपरांत चार ते सात कामाच्या दिसांभितर) चालू अशा वेव्हाराची बँकेक कळोवपाक गिरायकाचो भाग, म्हजे खातीर/आमचे खातीर दर वेव्हाराची जापसालदारकी वेव्हार मोलाक वा त्या त्या मार्गदर्शक तत्वां खाला व्याख्या केल्ल्या गिरायकाची चडांत चड दायित्व म्हणून उल्लेख केल्ल्या रक्कमे मेरेन मर्यादीत आसतली, जी उणी आसतली.

**वन ॲसिस्ट घोशणा:** म्हाका वन ॲसिस्ट प्लान विशीं चड जाणून घेवपाची इत्सा आसा आनी ते खातीर ॲक्सिस बँक आनी/वा ताचे प्रतिनिधी वा तांचे एजंट वा वन ॲसिस्ट कॉन्ज्युमर सोल्युशन प्रायवेट लिमिटेड वा वन ॲसिस्सटकडेन संबंद आसपी खंयच्याय तिसरो पक्षाक म्हाका संपर्क करपाखातीर हांगासर म्हजी संमती दिता. हांव समजतां की वन ॲसिस्ट ही वन वन ॲसिस्ट कॉन्ज्युमर सोल्युशन प्रायवेट लिमिटेडची एक ऑफर आसा आनी ह्या फॉर्मांत दिल्लो तपशील वन ॲसिस्ट कॉन्ज्युमर सोल्युशन प्रायवेट लिमिटेड आनी/वा हेर खंयच्याय तिसरो पक्ष जो वन ॲसिस्ट कॉन्ज्युमर सोल्युशन प्रायवेट लिमिटेड वांगडा बँकेचो वेव्हार पळयता तांचे वांगडा आवश्यकते प्रमाणें वा ॲक्सिस बँकेक समा दिसता ते प्रमाणें वांटतले. ही संमती वन ॲसिस्टचेर म्हायती संबंदीत म्हाका संपर्क करपा खातीर हांवें केल्ल्या खंयच्याय DNC नोंदणीचेर विशिश्ट माफी म्हणून मानतले. Y_____ N____ * हाका लागून गिरायकाक संवाद मेळपा खातीर 90 दिसां खातीर DNC माफी ओव्हररायड जातली

**FATCA-CRS नेम आनी अटी:** केंद्रीय प्रत्यक्ष कर मंडळान 7 ऑगस्ट 2015 दिसा नेम 114F ते 114H, आयकर नेम, 1962 चो एक भाग म्हूण अधिसुचोवणी दिल्या, जी नेमा प्रमाण बँक सारक्या भारतीय वित्तीय संस्थांनी आमच्या सगळ्या खातेंधारकांकडल्यान अतिरिक्त वैयक्तीक, कर आनी फायदेशीर मालकाची म्हायती आनी कांय प्रमाणपत्रां आनी दस्तावेजीकरण घेवचें पडटा. संबंदीत प्रकरणांत, खात्यांतल्यान योग्य आडावप वा ताचे संबंदी खंयचीय येणावळ सुनिश्चीत करपाच्या उद्देशान कर अधिका-यांक/नियुक्त संस्थांक/संबंदीत एजंटांक म्हायती दिवची पडटली. तुमी दिल्ल्या खंयच्याय म्हायतींत कसलोय बदल जाल्यार, उपकार करून तुमी 30 दिसांभितर आमकां ताची म्हायती दितले हाची खात्री करची. तुमच्या कर रेसिडेन्सी विशीं तुमकां कसलेय प्रस्न आसल्यार उपकार करून तुमच्या कर सल्लागाराकडेन संपर्क सादचो. तुमी अमेरिकेचे नागरिक वा रहिवासी वा ग्रीन कार्ड धारक आसल्यार, उपकार करून तुमच्या अमेरिकेच्या कर वळख क्रमांका वांगडा परकी देशाची म्हायती क्षेत्रांत अमेरिकेचो आस्पाव करचो. तुमी कर रावपी देशांत अशे वळखपी जारी केल्यार टीआयएन वा कार्यात्मक समतुल्य पुरवण करप सक्तीचें आसा. जर अजून टीआयएन उपलब्ध ना वा अजून जारी जावंक ना जाल्यार उपकार करून स्पश्टीकरण दिवचें आनी हें फॉर्माक जोडचें. सीकेवायसी घोशणा. म्हजो वैयक्तीक/केवायसी तपशील घडये केंद्रीय केवायसी रेजस्ट्री वांगडा वांटतले. वयल्या नोंदणीकृत क्रमांक/ईमेल नाम्याचेर एसएमएस/ईमेल वरवीं केंद्रीय केवायसी नोंदणी कडल्यान म्हायती मेळोवपाक हांव हाचे वरवीं संमती दितां.

हांव/आमी हाचे वरवीं बँकेक म्हजो एकूच गिरायक आयडी तिगोवन दवरपाक आनी आरबीआय मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण म्हज्या सगळ्या सक्रिय संबंदांक राखून दवरिल्ल्या गिरायक आयडी कडेन जोडपाक आनी म्हजे कडेन आशिल्ले हेर गिरायक आयडी स्थगीत करपाचो अधिकार दिता. हांव/आमी हाचे वरवीं म्हजो नवोताल्ल डॅमोग्राफिक तपशील अपडेट करपाक मान्यताय दिता जाचो एओएफचेर उल्लेख केल्लो आसा म्हणल्यार मोबायल क्रमांक, ईमेल आयडी, नामो सगल्या बँकींग संबंदा खातीर सद्याच्या सीआयएफ आयडींतल्या नव्या स्वाक्षरी सयत. फ्लिपकार्ट क्रेडीट कार्डा वांगडा लिबर्टी बचत खात्या खातीर अर्ज केल्ल्या गिरायकांक जर लिबर्टी बचत खातें 20 दिसां आदीं उगडलें वा फ्लिपकार्ट क्रेडीट कार्ड खातें उगडल्या उपरांत फ्लिपकार्ट क्रेडीट कार्डाचेर शुल्क माफी जोडपाक पात्र थारतले. जोडणी शुल्क माफी क्रेडीट कार्ड खातें उगडपाच्या तारखे सावन 45 दिसांनी फ्लिपकार्ट क्रेडीट कार्डाचेर प्रक्रिया जातली आनी जंय सक्रिय लिबर्टी बचत खातें आसा थंय सगळ्या पात्र कार्डां खातीर येवपी क्रेडीट कार्ड विवरणांत दिसतलें. वयल्या गजालींनी बँकांच्या विवेका प्रमाण बदल जावंक शकतात हें गिरायकाक समजता. हांवें/आमी पुरवण केल्ल्या खंयच्याय म्हायती वा दस्तावेजांनी फुडाराक किदेंय बदल जायत जाल्यार बँकेंक तत्काळ म्हणल्यार बदल जाल्ल्या तारखेसावंन तीस दिसांभितर कळयतलो/ले हें हांव/आमी सुनिश्चीत करतले. हांव/आमी फुडें मान्य करतात आनी सोपूत घेतात कीं, बँकेक हाचे वरवीं म्हजी/आमची डॅमोग्राफीक/संपर्क तपशील म्हायती हेर खंयच्याय बँकांनी/आर्थीक संस्था/हेर योग्य अधिक-यांक, तांणी मांडल्या खंयच्याय विशिश्ट गरजांच्या उद्देशान वांटपाक वा उघड करपाक हांव/आमी अधिकार दितात. खातें उगडपाच्या

प्रवासांत खातें उगडपाच्या फॉर्माचेर कॅप्चर केल्ल्या प्रमाण पगार खात्या वांगडा परतफेड खातें (एसबीईआरए) उगडपा खातीर हांव हाचे वरवीं ऍक्सिस बँकेक अधिकृत करतां.